आकाशवाणी पणजीच्या

राष्ट्रीय  खबरो

Date : 27/05/2026 6.30 PM

राष्ट्रपती

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज सांजवेळार गंगटोकांत जावपी सिक्किम विद्यापिठाच्या सातव्या दीक्षांत सुवाळ्यात मुखेल सोयरे म्हुण हाजिर रावतल्यो. सिक्किमचे राज्यपाल ओम प्रकाश माथुर आनी मुख्यमंत्री प्रेमसिंह तामांग हेय ह्या सुवाळ्याक हाजीर आसतले. ह्यावेळार त्यो 199 विद्यार्थिनीं सयत 285 गुनेस्त विद्यार्थ्यांक भांगरा आनी रुप्या पदकां भेटयतल्यो .

म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव

केंद्रीय मंत्रीमंडळान आयज भौशीक वितरण वेवस्थे खाला राशन, येरादारी आनी वेवस्थापन सहाय्य येवजण (सार्थक-पीडीएस) चालू दवरपाक मान्यताय दिल्या. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें,. Bytes

सर्वोच्च न्यायालयान सीबीएसईच्या

सर्वोच्च न्यायालयान आयज णवेतल्या विद्यार्थ्यांक उण्यांत उन्या दोन भारतीय प्रादेशिक भास सयत तीन भासांचो अभ्यास करप सक्तीचें थारायिल्ल्या सीबीएसईच्या धोरणाक आव्हान दिवपी याचिकेची तपासणी करपाक मान्यताय दिल्या. मुखेल  न्यायाधीश सूर्यकांत आणि न्यायमूर्ती जॉयमाल्य बागची व विपुल एम. पांचोली हांच्या खंडपीठान केंद्र सरकार, सीबीएसई आणि एनसीईआरटीक  नोटिस जारी केल्या आनी दोन सप्तका भितर आपणे  म्हणणे सादर करण्याचे निर्देश दिल्यात

एसआयआर

सर्वोच्च न्यायालयान आयज वेंचणूक आयोगान वेंचणूक वळेरेत केल्ल्या खाशेल्या सघन सुदारणा म्हल्यार (एसआयआर) प्रक्रियेची वैधताय कायम दवरला . एसआयआर प्रक्रिया मुक्त आनी निष्पक्ष वेंचणुकेच्या घटनात्मक गरजांक मुखार व्हरता अशें सर्वोच्च न्यायालयान सांगलां. लोक प्रतिनिधित्व कायदो, १९५० च्या कलम ३२४ आनी ताचे खाला केल्ल्या नेमा प्रमाण वेंचणूक आयोगाक एसआयआर घेवपाचो अधिकार आसा असो निकाल सर्वोच्च न्यायालयान दिलो. मजगती ह्या निर्णयाक भारतीय जनता पक्षान येवकार दिला.

पीयूष गोयल

वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी कॅनडा भेटीच्या दुसऱ्या दिसा कॅनडांतल्या वडील फुडारी आनी संस्थात्मक संस्थांनी गुंतवणूकदरां वांगडा जायत्यो उंचेल्या पांवड्याच्यो बसका घेतल्यो. द्विपक्षीय सहकार्य आनीक घटमूट करप आनी धोरणात्मक मळार गुंतवणूक आनी तंत्रज्ञान भागीदारी वाडोवप हो बसकांचे हेत आशिल्ल्याचें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री हांणी सांगलें. ह्या वेळार ताणी  भारत आनी कॅनडा हांचे मदीं वाडत आशिल्ल्या पूरकताये विशीं तांचे समपदस्थ मनिंदर सिध्दू वांगडा भासाभास केली. दोनूय वटांनी वर्स 2030 मेरेन द्विपक्षीय वेपार 50 अब्ज डॉलर मेरेन वाडोवपाच्य सामायिक ध्येयाचो परतून पुष्टी केल्या. तशेंच ह्या वर्साच्या निमाणे मेरेन

व्यापक अर्थीक भागीदारी कबलात (सीईपीए) पुराय करपाची वचनबद्धताय उक्तायल्या.ताचे उपरांत दोनूय देशांच्या मंत्र्यांच्या जोड येजमानकेन कॅनडा-भारत गुंतवणूक गोलमेज परिशद जाली. भारत सरकार मुळाव्या साधनसुविधांचो विकास, अर्थीक क्षेत्रांत सुदारणा, वेवसाय करपाक सोयी आनी जागतीक गुंतवणूकदारांक म्हत्वाच्यो संदी निर्माण करपाचेर लक्ष केंद्रीत करता अशे गोयल हांणी सांगला. गोलमेज परिशदे उपरांत गोयल हाणी विमो, अन्न प्रक्रिया आनी हेर वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्या मुखेल कॅनडियन कंपनीं कडेनय वैयक्तीक बसका घेतली. तसेचप्रवासी भारतीय समुदायाक मार्गदर्शन केले .कॅनडांतल्या भारतीय समाजाचें बळगें आनी भारत-कनाडा वेपार मार्ग घटमूट करपाक ताची म्हत्वाची भुमिकेचेर तानी भर दिलो.

एक कलोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी ‘खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. अर्ज करपाची निमणी तारीख १ जुन आसा.

खेळ

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत आयज सांजे7:30 वरांचेर सनरायझर्स हैदराबाद आनी राजस्थान रॉयल्स पंग्दमदि खेळ जातलो सिंगापूर ओपन बॅडमिंटनांत सर्तीत दादल्यांच्या एकोट्या गटाच्या पयल्या फेरयेंत भारतीय खेलगडो एच.s प्रणॉय हाणे पांचवे सुवातेर आशिल्ल्या इंडोनेशियन जोनाथन क्रिस्टीक आड 10-21, 21-12, 21-18 अशा सेटांनी जैत जोडले .

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्लीच्या कांय वाठारांनी उश्णताय ल्हारांखातीर 'यलो अलर्ट' जारी केला. तशेंच अस्तंत बंगाल, कोंकण आनी गोंय, ओडिशा, सौराष्ट्र, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकललात आयज उश्ण आनी दमट हवामानची शक्यताय आसा.